**गोंय विधानसभा संकुलात कायदो विशयी मसुदो अभ्यासक्रम शिबीर जालें**

ता. 16 सप्टेंबर 2025

भारत सरकारच्या कायदो आनी न्याय मंत्रालयाच्या इन्स्टिट्यूट ऑफ लेजिस्लेटिव्ह ड्राफ्टिंग अँड रिसर्च विभागान गोंय सरकारच्या कायदो विभाग आनी गोंय विधिमंडळ सचिवालयाच्या सहकार्यान मंगळारा दिसा पर्वरे गोंय विधानसभा संकुलात कायदो विशयक मसुदो तयार करपाच्या 35 व्या अभ्यासक्रमाचे आयोजव केल्ले.

विधिमंडळाचे वकील श्री. के. के. शर्मा आनी श्री. गिरीधर गोपाल वर्मा हांच्या फुडारपणा खाला जाल्ल्या अभ्यासक्रम शिबीरात विवीध राज्यांतल्या 20 प्रशिक्षणार्थी अधिकाऱ्यांच्या गटान वाटो घेतिल्लो. विभाग अधिकारी मीसला पद्मलथा हांच्या वांगडा अधिकाऱ्यांनी विधिमंडळाची कायदेविशी प्रक्रिया आनी कामकाजाविशी म्हायती जाणून घेवपा खातीर कायदो विभाग आनी गोंय विधिमंडळ सचिवालयातल्या अधिकाऱ्यां कडेन संवाद साधलो.

कायदो सचीव श्री. संदीप जॅकिस, कायदो विभागाचे सहसचीव श्रीमती नम्रता उल्मन, सहसचीव श्री. मोहन गावकर आनी गोंय विधिमंडळ सचिवालयाचे समिती अधिकारी श्री. एकनाथ सावंत ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

कु. स्निग्धरा नाईक आनी श्री. प्रणव साळगावकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री. प्रकाश सातारकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/754

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.